सुनापरान्त

पणजी, गोंय

मंगळार 2 नोव्हेंबर 2010

धावड्या जाल्यात.

नाशिल्ल्यान मॅचीचो निकाल टायब्रेकराचेर लावचो पडलो.

# हिन्दुस्तान मोटर्साची कर्मा एण्ड्युरो रॅली 2010 आयज

खेळां बातमीदार, फातोर्डें

हिन्दुस्तान मोटर्स कंपनीन फकत ॲम्बासॅडर मोटारीं खातीर दोन सप्तकांची कर्मा एण्ड्युरो चॅरिटी चॅलेंज रॅली 2010चें आयोजन केलां. फकत विदेशी चलकांनी चलयिल्ल्यो ॲम्बासॅडर मोटारी अस्तंत घाटावेल्यान गोंय, कर्नाटक, तामिळनाडू आनी केरळ ह्या राज्यांतल्यान सुमार 2000 किमी अंतर पुराय करतल्यो.

इंग्लंडांतले ग्लोबल एण्ड्युरो कंपनीन हे रॅली खातीर हिन्दुस्तान मोटर्स कंपनीच्या ॲम्बासॅडर मोटारींची निवड केल्या.

हे रॅलींत सुमार 24 मोटारी वांटेकार जातल्यो. तशेंच हे रॅलींत 50 विदेशी ड्रायव्हर वांटेकार जाल्यात.

ही रॅली म्हणजे सर्त न्हय. हातूंत इनामां वा पयलो, दुसरो अशे नंबर नासतले. हे रॅली वरवीं रेनबो ट्रस्ट चिल्ड्रन्स चॅरिटी, इंग्लंड आनी ॲडवॅन्चर आश्रम, भारत हांचे खातीर दुडू एकठांय करपाची मोख आसा. 20 ऑक्टोबर 2010 मेरेन ड्रायव्हरांनी 1.61 कोटी रुपया एकठांय केला. हे सर्तींत वांटेकार जाल्ले ड्रायव्हर इंग्लंड, न्युझिलँड, दक्षिण आफ्रिका, अमेरिका आनी कॅनडांतले आसात.

आयच्यान पयल्या पावंड्याक सुरवात जातली. ही रॅली 23 नोव्हेंबराक कुमारकोम, केरळांत सोंपतली. दुसरो पावंडो 23 नोव्हेंबराक सुरु जावन 3 डिसेंबराक सोंपतलो. आयज कोलवेच्या बेवॉच रिसॉर्टांतल्या रॅलीक सुरवात जातली. ते आदीं हे विदेशी ड्रायव्हर कोलवा आनी सरभोंवतणच्या सुमार 50 किमी वाठारांत आपल्यो मोटारी भोंवडायतले आनी उपरांत कारवार वचपाक भायर सरतले.